# <u>पोरण्या गोंयच्या सेंट फ्रान्सिस झेवियर फेस्तानिमतान येरादारी वेवस्थेत बदल</u>

ता. 24 नोव्हेंबर 2021

पोरण्या गोंयच्या सेंट फ्रान्सिस झेवियर फेस्ताच्या काळांत येरादारीची वेवस्था सुरळीत उरची म्हुण ता. 24 नोव्हेंबर ते 3 डिसेंबर 2021 ह्या काळाखातीर येरादारी वेवस्थेत सकयले प्रमाण बदल केला.

पणजी ते पोरणे गोंय मेरेन खास बस वेवस्था- पणजी ते पोरणे गोंय रायबंदर मार्गान खास बस वेवस्था आसतली. ह्यो बस गाड्यो पोरण्या गोंया धेंपे इंजिनियरींगाकडेन पावतकीर दाव्यान टर्न घेवन पार्किंगाखातीर भाकिया मालमत्तेत प्रवेश करतल्यों. तशेंच दोन चाकी वाहनांय धेंपे इंजिनियरींगाकडेन पावतकीर दाव्यान टर्न घेवन पार्किंगाखातीर भाकिया मालमत्तेत प्रवेश करतलीं. दिव्यांगांक घेवन येवपी वाहनांक पोरणे गोंय चर्च जक्शना मेरेन येवपाक मेळटले आनी जीटीडीसीच्या  आनी सुलभ शौचालया सामकारच्या उकत्या जागेत पार्किंग आसतले. ही पार्क केल्ली वाहनां आयिल्ली तशींच रायबंदर रस्त्यान परती वतली.

पणजी- फोंडा मार्गावयल्या बसींक रायबंदर रस्त्यान प्रवेश आसचो ना. ह्यो बसी तशेंच सगळीं अवजड आनी मध्यम वाहनां कदंब पठार रस्त्यान वळोवपात येतली. कदंब पठार बायपासा सावन ते सांतान चर्च, कुडका रस्तो एक मार्गी आसतलो. तशेंच ह्या रस्त्यान दोनीय वटेच्यान अवजड आनी मध्यम वाहनांक प्रवेश आसचो ना.

शेनवार, आयतार आनी फेस्ताच्या दिसा अवजड आनी मध्यम म्हालवाहू वाहनांक पोरण्या गोंयच्यान प्रवेश आसचो ना. ही वाहनां कारासवाडो जंक्शन आनी बाणस्तारी जंक्शनाकडल्यान आमोणा पूलावटेन वळोवपात येतली.

पिलार-नेवरा ते पोरणे गोंय रस्तो सगळ्या येरादारी खातीर एकमार्गी आसतलो. वाहनांक पोरण्या गोंयासावन नेवरा रस्त्यान प्रवेश आसचो ना. सगळीं वाहनां कदंब पठार मेरशी जंक्शन रस्त्यान फुडें वतली वा हलक्या वाहनांक नव्या सांतान चर्च रस्त्यान फुडें वचपाक मेळटले.

दक्षीण गोंयांतल्यान येवपी वाहनांक एला फार्म गेटीमेरेन येवन एला फार्माच्या शेतांत आनी जनावरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याच्या उकत्या जागेत पार्किंग करपाक मेळटले. दोन चाकी वाहनांखातीर नेवरा जंक्शनाच्या पयली खाजगी जागेत आनी बॉम जिजस  बासिलिका फाटल्यान पार्किंग आसतले.  जाल्यार नेवराच्यान येवपी बस गाड्यांनी एला फार्म गेटीकडेन पावतकीर दाव्यान वळचें आनी कुंकळयेकर स्कुल मैदानाचेर पार्किंग करचे आनी थंयच्यान परते वचपाक एनएच-748 न फुडें वचचें.

फोंडेच्यान येवपी दोन आनी चार चाकी वाहनांखातीर पिंटो गॅरेजी फाटल्या मैदानाचेर पार्किंग आसा आनी आयिल्ल्या त्याच रस्त्यान परते वचपाचे. फोंडेच्यान पणजे वचपी वाहनांनी सरळ कदंब पठार बायपास रस्त्यान फुडें वचपाचे.

दिवाडीच्यान पोरण्या गोंया येवपी वाहनांनी वायसरॉय आर्कातल्यान येवन सेंट कॅजेटन चर्च आवारांत पार्किंग करचे जाल्यार फोंडे आनी पणजी वचपी वाहनांनी वायसरॉय आर्क आनी कन्सेप्शन आर्क रस्त्यान फुडें वचपाचे. दिवाडी वचपी फोंडेवटेनच्या वाहनांनी नेवरा जंक्शनार उजव्यान टर्न घेवन पोरणे गोंय मुखेल जंक्शनाकडल्यान दिवाडी फेरीबोट धक्क्याकडेन वचचे.

गवंडाळीच्यान येवन दिवाडी वचपी वाहनांनी रमेश नायकाच्या घराकडेन उजव्यान टर्न घेवन दिवाडी फेरीकडेन वचचे. पणजेच्यान रायबंदर रस्त्यान दिवाडी वचपाक येवपी वाहनांनी पोरणे गोंय चर्च जंक्शनार दाव्यान टर्न घेवन सेंट कॅथरीन चॅपेलाकडल्या रस्त्यान नव्या लेनीन फेरी धक्क्याकडेन वचचे. कन्सेप्शन आर्काकडल्यान गवंडाळी रस्त्याक जोडपी लेनीतल्यान  नो एंट्री आसतली. पोरणे गोंय चर्च जंक्शन-

सेंट कॅथरीन चॅपेल लेन एक मार्गी आसतली. दिवाडी फेरीबोटीतल्यान अवजड आनी मध्यम वाहनांक प्रवेश आसचो ना. अशां वाहनांनी रायबंदर फेरी मार्गाचो वापर करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/986

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji